**2019 IV 13** **0930** **Seat No.** | | | | | |

**Time : 2½ Hours** **KONKANI (T. L.)**

**Subject Code**

| S | 1 | 3 | 2 |
|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 8** **(Printed Pages : 8)** **Maximum Marks : 80**

***सुचवण्यो :*** (*i*) दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.

1. (क) सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय वापरून वाक्य पुराय करून बरयात : 3

(अ) सायमनाच्या पायची निमणी इत्सा आशिल्ली की ............................

(1) सायमनान बुडटया भुरग्याक वाचोवचें.

(2) सायमनान पाद्री जावचो.

(3) सायमनान शेतां बांदावयल्यान धांवचो.

(आ) राजन आनी हॅलन नाचाची प्रॅक्टीस करताली कित्याक तर ............................

(1) तांकां शिगम्याचे सर्तींत वाटेंकार जावचें आसलें.

(2) तांकां कार्नावालाच्या सर्तींत वांटेकार जावचें आसलें.

(3) तांकां दसऱ्याचे सर्तींत वांटेकार जावचें आसलें.

(इ) जाण्टेलो व्हडा कश्टान गाडयार वचून बसलो कारण ............................

(1) ताका घुंवळ आयिल्ले भशेन दिसलें.

(2) ताका काळजाची पिडा जाल्ले भशेन दिसलें.

(3) ताका अजीर्ण जाल्ले भशेन दिसलें.

(ख) सकयल दिल्लीं विधानां कंवसांत दिल्ल्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं आसात. तीं वळखून त्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं नांवां बरयात : 2

(डॉ. नारायण देसाय, हेमा नायक, फेलिसियु कार्दोज)

(अ) सरान घडिल्ली गजाल सगळ्या मुखार कथन केली.

(आ) मरणावेळार ह्या म्हान गोंयकाराची पिराय आसली फकत 40 वर्सां !

(ग) सकयल दिल्लीं **खंयचींय तीन** विधानां कोणे कोणाक म्हणल्यांत तें बरयात : 3

(अ) "बाप्पा शिळोण्या काय शिलोने रे ?"

(आ) "सपनां पळयात, आनी सपनां खरी करूंक वावुरात."

(इ) "ओ माय गॉड. ही जाण्टेली इतली शिकल्या !"

(ई) "म्हज्या पुता तूं पाद्री न्हू. तूं जावन आसा जेझू..."

2. (क) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय चार** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात : 4

(अ) दो. फ्रांसिस्कु लुईश गॉमिश हांकां खंयच्यो खंयच्यो भासो येताल्यो ?

(आ) रामनाथाल्या बिल्डिगेंत कितलीं कुटुंबां रावतालीं ?

(इ) फादर फ्रेडी जे. द. कॉस्ता शेतांत कसल्या साऱ्यांचो वापर करताले ?

(ई) बरोवपी शिळोण्या कित्याक वतालो ?

(उ) हॉलंडाच्या लोकांक भव्य दिव्य गजाली परस कसल्यो गजाली आवडटात ?

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **40** ते **45** उतरांनी बरयात : 8

(अ) गोंयच्या लोकवेदांत भारत देशांतल्या सगळ्या संस्कृतायांचो प्रभाव कसो दिसून येता ?

(आ) केशव प्रणिताक आपलो 'पूत' कित्याक म्हणटा ?

(इ) नव्या सोमाराक बाबुमाम कितें करतालो ?

3. (क) सकयल 'ब' गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यात आनी 'भ' गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्यांत. त्या त्या कडव्या मुखार योग्य अर्थ बरोवन वाक्यां जुळयात : 2

| 'ब' | 'भ' |
| --- | --- |
| (अ) गोंधळूं नाका ध्येय तुजें लाख मोलाचें | (1) वडाची जीण खूप व्हड आसता. |
| (आ) भाग्य तुजी जीण वडा तुजे जिणे लागना थाव | (2) मनशाचें ध्येय सगळ्यांत मोलाचें आसता. |
| | (3) मनशाचें ध्येय लाख रुपयांक विकतें मेळटा. |
| | (4) वडाची जीण खूप खोल आसता. |

(ख) सकयल दिल्ल्या कवितेच्या वळींतल्यो रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फावो त्या उतरांनीं भरून वळी परत बरयात : 2

(अ) आमोरेचेर आंगणांतल्या ........................................ फुलता कळो.

(सदाफुलीक, मोगरेक, रातराणयेक)

(आ) बाबुलो तूं आसताना मांयच्या ........................................ भावा तूं खेळटाना.

(वेंगेंत, माणयेर, उसक्यार)

(ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात : 2

(अ) वड आमकां कशेतरेन आलाशिरो दिता ?

(आ) झाडांकडेन कसले गूण आसात ?

(इ) मनशान सपन पुराय करपाक कितें करपाक जाय ?

(घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **20** ते **25** उतरांनी बरयात : 6

(अ) तारयाच्या जिणेक सरयेवेलो नाच कित्याक म्हणलां ?

(आ) भुरग्यांनीं मांय खातीर कितें करूंक जाय ?

(इ) भारतीय सगले आमी "आत्मो आमचो एक" अशें कवी कित्याक म्हणटा ?

(ई) "चान्याचे राती" हे कवितेंत कवी केन्ना आनी कशे तरेन नाचुंया गावंया म्हणटा ?

4. (क) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात : 2

(कानार पडप, सुर्या पडप, दांत पाजोवप, सपनां भंगप)

(अ) निशान <u>येवजिल्लें</u> <u>कांयच</u> <u>घडून</u> <u>आयलें</u> <u>ना</u>.

(आ) पंचपक्वानां पळोवन सुरेशान <u>रूच</u> <u>काडली</u>.

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं उरफाट्या अर्थांची उतरां बरयात : 2

(अ) सुरवात

(आ) परतंत्र

(इ) म्हारग

(ई) अशीर

(ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं विशेशणां करून बरयात : 2

(अ) देश

(आ) भावना

(इ) पिशेपण

(ई) मोल

(घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं भावनामां करून बरयात : 2

(अ) गोड

(आ) चकचकीत

(इ) सुरबूस

(ई) भव्य

5. (क) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय स** वाक्यांत कंवसांत दिल्ले सुचवणे प्रमाण बदल करून बरयात : 6

(अ) जाता म्हाका म्हज्या याद भुरगेपणांतली.

(उतरांची फाव तशी मांडणी करून वाक्य परत बरयात)

(आ) आयज आमच्यो परिक्षा सोंपतात.

(भविश्य काळांत बरयात)

(इ) अभ्यास करूंक नाशिल्ल्यान समीर नापास जालो.

(अव्यय वापरून दोन विधानां करात)

(ई) भुरगो धरच्यानी खेळटा.

(वचन बदलात)

(उ) पावस पडत आसा.

(न्हयकारी करात)

(ऊ) होलंड जाल्यार पुलांचो जादुगार.

(वाक्य शुद्ध करून बरयात)

(ए) आवयन बाबूक न्हिदयलो.

(लिंग बदलात)

(ख) सकयल दिल्ली **खंयचींय दोन** अव्ययां वापरून दरेकी **एक-एक** वाक्य घडोवन बरयात : 2

(अ) लागून

(आ) आंवय !

(इ) पूण

6. (क) सकयल दिल्लो संवाद शिक्षक आनी संजू मर्दी आसा. तो तुमच्या उतरांनी पुराय करात आनी परत बरयात : 4

शिक्षक : आरे संजू, तूं काल शाळेक कित्याक आयलो ना ?

संजू : ..............................................................

शिक्षक : कितें जाले तर तुज्या आईक ?

संजू : ..............................................................

शिक्षक : म्हळ्यार कालच्या दिसाळ्यांत अपघाताची खबर आयिल्ली ती तिची ?

संजू : हय सर.

शिक्षक : ..............................................................

संजू : आता बरी आसा पूण कांय दीस हॉस्पिटलांत उरतली.

शिक्षक : ..............................................................

संजू : हय सर ! देव बरें करूं.

(ख) "सैमाची जतनाय कशी घेवप" ह्या विशयाचेर अमर आनी सुनिता उलयतात. तांच्यामर्दी जाल्लो संवाद **5** ते **6** वळींनी बरयात. 4

7. (क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात :

ह्या देशांत समानताय आसा. कायद्यान मान्य केल्या. पूण ती फक्त कागदारूच उरल्या. अजुनूय दादलो दादल्याचेच सुवातेर आसा आनी बायल बायलांच्याच पांवड्यार उरल्या. बायल दादल्यांचीं कामां करूंक लागल्या पूण दादलो बायलांचीं कामां करता व्हय ? रांदप, वाडप, भुरग्यांक न्हाणवप, उमळप, घांसप तो अजून खंय करता ? घर दोगांयचें म्हण्टकच कामूय दोगांयचें आसूंक नाका ? हीं कामां हलकीं अशें समजून तीं करपाक दादल्यांक लज. दिसूंक फाव ना. मागीरच समानताय येतली.

**प्रस्न :**

(अ) देशांतली समानताय कोणें मान्य केल्या ? 1

(आ) बायलां कोणांचीं कामां करूंक लागल्यात ? 1

(इ) दादलो अजून खंयचीं कामां करना ? 1

(ई) बायलां दादल्यां मदीं समानताय केन्ना येतली ? 1

(उ) उताऱ्याक फावसो म्हाथाळो दियात. 1

(ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणींत अणकार करून बरयात : 2

Now-a-days we see a lot of indiscipline amongst students. This is a concern, not only for teachers but also to parents.

(ग) सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांच्या आदारान योग्य माथाळो दिवन सुमार **100** उतरांनी काणी बरयात : 5

अेक शेतकार – शेत लावप – देवाकडेन वचप – विनवणी करप – "म्हज्या शेताचेर कसलीच आपत्ती येवची न्हय." – देवान हय म्हणप – शेतकार आता सुशेगाद

न्हिदप – कांय म्हयन्यानी शेत पिकप – शेतकार उमेदीन लुवपाक वचप – पूण भात पोकें आसप – रागान परत देवाकडेन वचप – अशें कित्याक जालें ? म्हण विचारप – देवान सांगप – "शेत जेन्ना सगळे तरेचे कश्ट भोगता, सोसता तेन्नाच ताच्या भितर गर (दाणो) तयार जाता." – शेतकाराक चूक कळप – देख.

8. (क) तू रमा/रमाकांत नायक, रावता, मदलो वाडो, घर नं. 545, मडगांव गोंय. हांगां साकून "फॉर्मालीन वापरिल्लें नुस्तें भलायकेक वायट कशें तें सांगपी चीट आपल्या इश्ट/इश्टिणीक. मनीश/मनीशाक बरय. 5

**वा**

तूं रिटा/रायन पिन्टो, रावता अमूल गार्डन्स, काणकोण गोंय. हांगां साकून तुमच्या वाठारांत शाळेची बस (बालरथ) शाळेच्या भुरग्यांक व्हरपाक येवची म्हण विनवणी करपी चीट शाळेच्या मुखेल्याक बरयात. 5

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय एका** विशयाचेर **150** उतरांनी निबंद बरयात : 7

(अ) गोंय, धर्तरेवेलें सर्ग !!

(आ) अेका पदेराची आपजीण

(इ) नितळसाण आमचें कर्तव्य

(ई) वाचन काळाची गरज.